# नाविकांक कळोवणी

ता. 28 ऑगस्ट 2024

उजो पालोवपी दळान आपल्या जवानांक हुंवाराच्या घडणूकां वेळार करपाच्या बचाव कार्यासंबंदीत प्रशिक्षण दिवपा खातीर ता. 31 ऑगस्ट 2024 दिसा मांडवी न्हंयत दिवाडी जुव्यालागी सकाळी 7.00 ते 11. 00 वरां मजगती प्रशिक्षण सरावाचे आयोजन केला. उजो पालोवपी दळाच्या जवानांक पॉवर बोट चलोवप, जीव वाचोवपाचे तंत्र आनी हेर प्रशिक्षण दितले.

ते खातीर मांडवी न्हंयत वयल्या उदका मार्ग क्षेत्रातल्यान येरादारी करपी सगळ्यों बार्जी, प्रवासी लाँची, क्रुईज बोटी, उदकाखेळ बोटी, पनेळ, फेरीबोटीं, नुस्तेमारी बोटीं, आनी हेर यांत्रिकीं आनी बिनयांत्रिकीं नाविकांनी उजो पालोवपी दळाच्या जवानांच्या प्रशिक्षण सरावाक कसलीच आडखळ येवची न्हय म्हुण वयल्या काळांत बारीक नदर दवरून, सवकसायेन येरादारी करची आनी गरज पडली जाल्यार सुरक्षीत अंतराचेर थांबचे. तशेंच गस्तीचेर आशिल्ल्या बोटीवयल्यान तांबडो बावटो दाखोवन दिवपात येवपी सुचोवण्यांक पाळो दिवचो, अशें कॅप्टन ऑफ पोर्टस् खात्यान कळीत केला.

म्हा /सप/ / विगां/ 2024/448

--
-------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity
Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,
Panaji – Goa.